
# धा कविता

– बाळकृष्णजी कानोळकार



१

रुख:
मनिसकुळयेचें मूळ
पांचवी धूळ
दिगंतरांत

२

मळबांतलो एक थेंबो
धतरेक भेटूंक आयलो
बाळक जावन तिचो
वटवृक्ष जालो

३

भर गिमांत
गुलमोहर चंवरेता.
आरे पिशा
तो म्हणटा:
म्हर्जी दुख्खां तीं
फुलां जावन जीं
फुलतात
रगता कणकर्णी

४

कोगूळ गायता
वसंताक
तोडी फुट्टा
नातूक रट्टा
मळबाक
नदर फुट्टा.

५

उसरां येयल्यारूय
गाळी
बेग्यान येयल्यारूय
गाळी
सांगत कोणूय,
पावसान
करचें किर्ते?

६

बाळक किर्णां
पळयता धरूंक
ताका ना सुर्या –
भय. अभय तें एक

७

रोब घातलो म्हण
मनीस जायना
रोब
मनशानूच केला

८

हाताक चावी लागल्यार
कुलपाक ती
लागतच म्हण ना
ताकाय
तकली लागता

९

दोंगरा आड सुर्या
उदेलो काय ना उदेलो
सारकेंच.
फांतोड जावंच्याक सुर्या
उदेचो पट्टा
मनांत.

१०

सुकती–भरती न्हंयक
झऱ्याक न्हय.